# <u>जून  म्हयन्याचो रेशन कोटा</u>

ता. 25 मे  2023

जून-2023 म्हयन्यात अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक रेशन कार्डाफाटल्यान 35 किलो तांदुळ फुकट दितले. प्राधान्यक्रम कुटुंबांक लावधारका फाटल्यान 5 किलो तांदुळ फुकट दितले.

एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान प्रती कार्ड  10 किलो तांदुळ आनी 10 रूपया दरान 5 किलो गंव दितले.

कल्याणकारी संस्थां येवजण कार्डधारकांक तांदुळ 6.15 रूपया किलो आनी गंव 4.80 रूपया किलो दरान वितरीत करतले.

सवाय धान्य दुकान मालकांनी आपलो धान्य कोटा व्हरून रेशन कार्डधारकांक वितरीत करचो. रेशन कार्डधारकांनी आपलो रेशन कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानातल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार रेशन कार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/432

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.